गोंय सरकार
म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें
पणजी-गोंय
पत्रक

**भांगराळे गोंय करपाक आमी सगळयांनी एकवटान यत्न करूया-मुख्यमंत्री**

ता. 18 जून 2019
28 ज्येष्ठ 1941

गोंय राज्यान मुक्ती उपरांतच्या काळात सामाजिक-आर्थिक मळार भरीव उदरगत करून गोंय गतिमान आनी प्रगतशील राज्य म्हुण फुडें आयिल्ले आसा. गोंय राज्यान वेगवेगळया क्षेत्रात आवश्यक साधन सुविधा निर्माण करून राज्याक उदरगतीच्या तेंगशेर पावयला. गोंय राज्य हे भांगराळे गोंय करपाखातीर सरकाराचे प्रयत्न चालू आसून आमी सगळयांनी त्याखातीर एकवटान वावराक लागपाची गरज आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पणजेच्या आझाद मैदानाचेर राज्य पातळीवयल्या गोंय क्रांती दीस सुवाळयात उलयताना सांगले.

गोंय राज्य कोयर आनी प्लास्टिक मुक्त करपाखातीर सरकारान हालीच हरीत गोंय-नितळ गोंय कार्यक्रम सुरू केल्लो आसून कोयराची समस्या सोडोवपाखातीर वेर्णा, काकोडा आनी हेर कडेन कोयर प्रक्रिया प्रकल्प उबारतले, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगले. नितळसाण ही आमच्या जीणेचो एक भाग आसून आमी प्लास्टिकाचो वापर कमी करपाची गरज आसा. आमी आमच्या सरभोवतणचो वाठार नितळ दवरपाखातीर यत्न करपाक जाय अशेंय तांणी सांगले.

स्वातंत्र्य सैनिकांच्या त्यागाक लागून आमका स्वातंत्र्य मेळ्ळे. ज्या तरेन स्वातंत्र्य सैनिकांनी गोंयाक मुक्त करपाखातीर चळवळ सुरू केली त्याप्रमाणे आमी आयज राज्याचो सर्वांगिण विकास करपाखातीर सरकारच्या यत्नांक सहकार्य करपाची गरज आसा, अशें डॉ. सावंत हांणी सांगले. समाजातल्या सामान्य लोकांच्या आनी खास करून दुबळया समाजाच्या फायद्याखातीर सरकारान विधेयक हाडला, अशेंय तांणी सांगले.

राज्यातलो बेकारीचो प्रस्न सोडोवपाखातीर कुशळताय आनी रोजगारयुक्त अभ्यासक्रम सुरू करपाखातीर सरकारचे प्रयत्न आसात. युवकांक आपलो स्वताचो वेवसाय सुरू करपाक योग्य कुशळताय आनी मार्गदर्शन करपात येतले. राज्यात

निल, हरीत आनी धवल क्रांतीचेर भर दिवन नुस्ते, शेती आनी दुध उत्पादन वाडोवपाची गरज आसा, अशेंय मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

गोंयच्या मुक्ती चळवळीच्या इतिहासात 18 जूनाक खूप म्हत्व आसा. क्रांती दिसाचो इतिहास गोंयातल्या भुरग्यांमेरेन पावचो म्हुण सरकारान पुस्तीका शापिल्ली आसून ही पुस्तीका शाळांतल्या भुरग्यांक वाटपात येतली. तशेंच मुक्ती चळवळीच्या इतिहासाची म्हायती दिवपी फोटो आनी माहितीचे दालन उक्ते करतले. स्वातंत्र्य सैनिकांच्यो मागण्यो पूर्ण करपाचेय उतर मुख्यमंत्र्यान हयावेळार दिले.

स्वातंत्र्य सैनिक संघटनेचे अध्यक्ष श्री. चंद्रकांत पेडणेकर आनी श्री. पांडुरंग कुंकळ्येकर हांणीय हया वेळार आपले अनुभव मांडले.

सुरवेक मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, सभापती श्री. राजेश पाटणेकर, महसूलमंत्री श्री. रोहन खंवटे, मुख्य सचीव श्री. परिमल राय आनी स्वातंत्र्य सैनिकांनी आझाद मैदानावयल्या हुतात्मा स्मारकाचेर पुष्पचक्र घालून आर्गा ओपली.

उत्तर गोंय जिल्होधिकारी श्रीमती मेनका, संचालक श्री. तारीक थॉमस, श्री. अमेय अभ्यंकर, सरकारी अधिकारी, स्वातंत्र्य सैनिक आनी नागरीक हया वेळार हजर आशिल्ले.

उपरांत स्वातंत्र्य सैनिकांनी आग्वाद किल्ल्याचेर वचून हुतात्म्याक आर्गा ओपली.

मा/वाप/एनजी/जॉआ/विगा/सुसुका/2019/331